**<u>घाऊक विक्रेते आनी उत्पादन उद्‌देगांचे सोऱ्याचे गुदांव, आस्थापनां सील करपाचो आदेश</u>**

ता. 20 एप्रिल 2020

खंयच्याय समाज विरोधी घटकांकडल्यान चोरयां सोऱ्याची विक्री करपा खातीर कसल्याय तरेन जावपी यत्नांक प्रतिबंद करपा खातीर अबकारी आयुक्ताच्या कार्यालयान लॉकडावनाचो काळ सोपमेरेन घाऊक विक्रेते आनी उत्पादन उद्‌देगांची सगळीं सोऱ्याची आस्थापनां, बॉन्डस, गुदांवां सील करपाचो आदेश दिला.

अबकारी अधिक्षक आनी अबकारी निरीक्षकांक लॉकडावन काळामेरेन घाऊक विक्रेते आनी उत्पादन उद्‌देगांची सोऱ्याची आस्थापनां, बॉन्डस, गुदांवां सील करपाचो आदेश दिला. विक्रेत्यांआड कसलीय कागाळ आयल्यार कायदेशीर कारवाय जातली.

अबकारी निरीक्षक आपल्या कार्यक्षेत्रांत सदांच नेमान तपासणी करतात आनी मेळील्ल्या म्हायती प्रमाण रोकड्या रोकडीं कारवाय करतात. लॉकडावनाच्या सुरवाते सावन आता मेरेन खात्यान 11 कागाळींची नोंद करून गुन्यांवकारांचे परवाने रद्द केल्यात.

काल मुरगांवच्या एका परवानो धारकाच्या घरातल्यान बंद बाटलीतल्यान चोरयां सोऱ्याची विक्री जाता अशी म्हायती मेळ्ळ्या उपरांत, अबकारी खात्यान धाड घालून णव लाख किंमतीच्या सोऱ्याच्यो 319 कासो जप्त केल्यो.

अबकारी खात्यान हांचे पयली परिपत्रक काडून लॉकडावन काळामेरेन उत्पादन आस्थापनां सयत सगळीं परवानाधारक सोरो विक्री आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश दिल्लो आसा आनी आपल्या अधिकाऱ्यांक चेक पोस्ट, जेटी आनी हेर संवेदनशील वाठारांत सतर्कताय वाडोवपाक सांगला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/215

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA